11 July 2025 7.20pm

मुखेलमंत्री तंत्रगिन्यान

पर्यटन मळावेल्या जाळवणदारांनी सुरक्षिततताय तशेंच आधुनिकतेकडे सागंड घालपाच्या हेतान तंत्रगिन्यान आपणावप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते पणजे एका शासकीय कार्यावळीदरम्यान उलयताले. आताचे जग डिजीटलायजेशनाचे जाला, ताका लागुन  वेगवेगळ्या एपाच्या माध्यामातल्यान कामा सोपी आनी पारदर्शक पध्दतीन जांवक शकता अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला. हालीच एका पर्यटक टॅक्सी वेवसायिकाक सतोवणुक करुन मारपेट करप तशेंच  तांटी टॅक्सी पळोवपाच्य घडणुकीचे प्रकरण लक्षात घेतना टॅक्सी वेवसायिकांखातीर लेगीत  टॅक्सी एप सुरक्षिततायेच्य नदरेतल्यान महत्वाचे थारता अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

मुखेलमंत्री

40 वर्सा पोरण्या बिल्डीगेंतली सरकारी कार्यालया फुडल्या दोन वर्साभितर नव्या सुवातीत स्थलांतरीत करतले, तशेंच  तालुका पावंड्यावेल्या न्यायालयांचे नुतनीकरणाचे काम लेगीत सुरु जाला, न्यायालयांक बरी साधन सुविदा दिंवन न्यावेवस्थेच घटमुट करप, तशेचं  गुन्हयावकाराआड खर कारवाय करुन न्यायाखातीर दाद मागपी नागरीकांक  तो मेळोवन दिवपाक सरकार  कटीबध्द आसा अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते अभियोक्ता संचालनालयाच्या( directorate of prosection) चे पाटो पणजी bsnl बिल्डीगेंत स्थलांतरीत कार्यालयाच्या उक्तावण सुवाळ्यावेळार उलयताले. ह्यावेळार तांच्या हस्तुकी  प्रोसिक्युटरांक सच्चया कामकाजाखातीर लागपी लॅपटॉप मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी दिले.ह्यावेळार एडवोकॅट जनरल देविदास पांगम, मुखेल सचिव वी. कान्दांवेलु, अधिवक्त संचालक  पुनम भरणे तशेंच  संबंधित कर्मचारी आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

‘बेस्ट युनिव्हर्सिटी

गोंय विद्यापिठाक राष्ट्रीय भू-स्थानिक पुरस्कार 2025 वर्सा सगळ्यांत प्रतिशठीत ‘बेस्ट युनिव्हर्सिटी (राष्ट्रीय) पुरस्कार’ फावो जाला.भारत सरकार, भारतीय शिक्षण मंत्रालयाच्या जोडपालवान 17 जुलयाक आयआयटी मुंबय हांगा ‘ओपन सोर्स

जीआयएस दीस' उत्सवा वेळार हो पुरस्कार विद्यापिठाक दितले. भारतांतल्या 10 विद्यापिठांनी जांणी आपल्या अभ्यासक्रमात geospatial technology शिकोवपी विद्यापिठांक हो पुरस्कार फावो जाला. हे शिवाय गोंय विद्यापिठाच्या गोवा बिझनेस स्कूलांतल्या संगणक विज्ञान आनी तंत्रज्ञानाचे सहाय्यक प्राध्यापक रामराव वाघ हांकां भौगोलिक म्हायती प्रणाली (जीआयएस) तंत्रज्ञानाक संबंदीत अभिनव संकल्पना आपणावपा खातीर 'नॅशनल जिओस्पॅशियल इमर्जिंग फॅकल्टी फेलो (इंटरडिसिप्लिनरी कॅटेगरी - जूरी) पुरस्कार' 2025 फावो जाला.

भजन सर्तीचो निकाल

गोंय कला अकादमीन घडोवन हाडिल्ले सर्गेस्त मनोहरबुवा शिरगांवकार यादस्तीक महीला विभागीय भजन सर्तीत चवथ्या केंद्रावयल्या भजन सर्तीचो निकाल जाहीर जाला.सर्तीचे परीक्षक देवानंद भोसले,सुदन फडते आनी रामा नायक गोवेकार हाणी लायिल्ले निकाला प्रमाण सर्तीतले ७०००रुपयांचें पयलें इनाम नोन मोन वास्कोच्या श्री हनुमान महिला भजनी पंगडाक फावो जालां. पांच हजार रूपयांचें दुसरें इनाम वास्कोच्याच शिवसमर्थ सांस्कृतीक मंडळाक जाल्यार तीन हजार रुपयांचे तिसरें इनाम मेस्तांवाडो वास्कोच्या श्री राम विश्र्वकर्मा महिला भजनी पंगडाक घोशीत केलां.सर्तीतलीं उमेद वाडोवपी इनामां शांतादुर्गा कलासागर महीला भजनी मंडळ,कवळें फोंडें,मेगा संगीत केंद्र लोलयें काणकोण,आनी गजानन भोगदेश्वर महीला भजनी मंडळ बोगदा वास्को हांकां फावो जाल्यात.बरें गायका खातीरचीं इनामां दक्षासतीश परब,मानसीक प्रमोद च्यारी आनी Radni nitin phaldesai,हांकां दरेकी १५०० रुपयांची इनामां फावो जाल्यात.बरें पखवाजवादना खातीरचें इनाम स्नेहा संतोश नार्वेकार आनी बरे संवादिनी वादना खातीरचें इनाम अथश्री नायक हांकां फावो जाल्यात.केंद्र नंबर ४ वयली भजन सर्त महारूद्र हनमान संस्था नवे वाडलें,वास्को आनी कपिलेश्वर संस्थान कपिलेश्वरी फोंडेंसुवातेर जाली.

आयकर लवाद २०२५ परीशद

राश्ट्रीय आयकर लवाद २०२५ परीशद गोंयात १२ आनी १३ जुलैयांक पणजे मेरीयट हॉटेलात जातली. लवादाच्या ८४ व्या संस्थापक दिसा ह्या परीशदेचे आयोजन केला. जाल्यार परीशदेक देशभरातले आयकर मानेस्त आनी प्रतिनिधी वाटो घेतलो अशी म्हायती लवादाचे निवृत्त न्यायधीश सी. व्ही भंडंग, आनी दिल्ली क्षेत्राचे उपाध्यक्ष महाविर सिंग हांणी पणजेत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या.

परीशदेच्या उक्तावणाक  12 जुलैयाक महाराश्ट्राचे राज्यपाल सी. पी राधाकृश्णन मुखएल सोयरे म्हण हाजीर रावतले.  हे शिवाय कैंद्रिय कायदो राज्यमंत्री अर्जुन राम मेघवाल, मुंबय उच्च न्यायालयाचे न्यायधीश आश्विन दामोदर भोबे, soliciter general of india तुशार  मेहता, तशेचं  institute of charted accounts of indiaचे अध्यक्ष चंद्रनसिंग ज्योत नंदा हे मानाचे सोयरे  म्हण हाजीर रावतले.

ह्या परीशदेत  नवे आयकर कायदे, आयकल विधेयक २०२५ , ह्या विशयाचेरं चर्चा जातली. जाल्यार 13 जुलैयाक समारोप सुवाळ्याक  मुंबय उच्च न्यायलयाचे न्यायाधीश आश्विन भोबे,कैंद्रिय कायोद वेव्हार खात्याची सचिव अंजु राथी राणा, तशेंच  central board of direct taxes चे अध्यक्ष रवी अगरवाल हे मानेस्त आयकर कायद्याविसी मार्गदर्शन करतले.

गोवा मराठी चित्रपट महोत्सव

14 वो गोवा मराठी चित्रपट महोत्सव 9 आनी 10 ऑगस्ट ह्या काळात पणजे आयनोक्स तशेंच माकीनिझ पॅलेस हांग जातलो. ह्या महोत्सवात 15 परस चड सिनेमा दाखयतले. हांतुन पयलेच खेपे दाखोवपी सिनेमा, तशएचं सिनेरसिकांक आवडील्ले सिनेमा, तशेंच गोंयांत पयलेच फावट दाखवपी सिनेमांचो आसपाव आसा.  महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्य हस्तुकी जातले. जाल्यार  महोत्सवाक नामनेचे बॉलीव्हुड भिनेतो अक्षय कुमार  मानाचे सोयरे म्हण हाजीर रावतले अशी म्हायती ह्यावेळार  महोत्सवाच्या आयोजकांनी दिल्या.महोत्सवादरम्यान नामनेचे मराठी अभिनेता डॉ. मोहन आगाशी हांका तांच्या कृतज्ञता पुरस्कार दितले.  जाल्यार महोत्सवात  आर्टीफीशल इन्टेलिजंन्स चो कैंटेट निर्मितीखातीर कसो उपेग करु येता हाचेविंशी खासा कार्याशाळा आयोजित केल्या.

महोत्सवात गोंयांत निर्मिती केल्ले शर्व शेट्ये हांचो हिंदी लघुपट “कर्ज” आनी किशोर अर्जुन निर्मित कोकंणी लघुपट “:एक कप च्या” हे 2 लघुपट दाखयतले.

नाट्यमहोत्सव

गोंय सरकारचे कला आनि संस्कृती खाते ,वेदांत एंटरटेनमेंट ,सत्तरी रिपोर्टर फोरम आणि रवींद्र भवन साखळी यांच्या जोडपालवान फाल्या 12 जुलै 2025 ते 15 जुलै 2025 हे चार दीस 3 रो सर्गेस्त वासुदेव काणेकर नाट्यमहोत्सव साखळेच्या रवींद्र

भावनात जातलो. फाल्या शेंनवारा सांजवेळा साडे स वरांचेर उक्तावण सुवाळो जातलो. या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण गोय राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले. त्यांच्या वांगडा समाज कार्यकर्ता सुलक्षणा सावंत, कला आणि संस्कृती खात्याचे संचालक सगुण वेळीप आनी साखळी रवींद्र भवन चे उपाध्यक्ष श्री दत्ताराम चीमुलकर हे मानेस्त हजर आसतले. फाल्यां 12 तारखेर ओ बाय गव्हरमेंट घोव जाय ?आयतारा 13 तारखेर आयतो पैसों करता पिसो, सोमवार 14 तारखेर पावलार पावली नाचयता बावली जाल्यार मंगळार 15 तारखेर फॅमिली लय भारी ही कोकणी नाटकां जातलीं. चार दिस चलपी या नाट्यमहोत्सवाक रसिकांनी वडा संखेन हजर रावचे अशें आवाहन आयोजकांनी केला.